**वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयावतीन 'इको फ्रेंडली' आकाशकंदील सर्त**

ता. 1 नोव्हेंबर 2023

मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान "म्हज्या देशाखातीर म्हजे मत" ह्या संकल्पनेक उर्बा दिवपा खातीर वेंचणुकेच्या विशयाचेर 'इको फ्रेंडली' आकाशकंदील सर्तीचें आयोजन केला. सर्तीत वांटेकार जावप्यांनी आपल्या तपशीला सयत (नांव, थळ, संपर्क क्रमांक) ceo_goa@eci.gov.in ह्या ई-मेलाचेर नोंदणी करची. ही सर्त सगळ्या पिरायेच्या गटां खातीर उक्ती आसा. नोंदणी पुरायपणान फुकट आसा आनी सर्तीत वांटो घेवपाक शुल्क आसचे ना. सर्तीत वांटेकार जावप्यांनी आपलो 'इको फ्रेंडली' आकाशकंदील 10 नोव्हेंबर 2023 मेरेन मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयात सुपुर्द करपाक जाय.

आकाशकंदील 'इको फ्रेंडली' आनी वेंचणूक विशयाचेर आदारीत आसपाक जाय. सर्तीचे पयले इनाम रोख 10,000/- रूपया, दुसरे 5,000/- रूपया आनी तिसरे 3,000/- रूपया तशेंच ट्रॉफी आनी प्रमाणपत्र आसा. चड म्हायती खातीर इव्हेंट समन्वयक दिपेश दळवी (9689052423) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/854

--
--------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity, Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.